# <u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं ट्रॅव्हल माईल्स नेमाळ्याचो शुभारंभ</u>

ता. 14 जानेवारी 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे गोवा माईल्सच्या कार्यालयात आयोजीत कार्यक्रमात पर्यटकांक गोंयची पर्यटन स्थळां, प्रवास सुविधां, हॉटेल्स आनी हेर सुविधांची म्हायती दिवपी ट्रॅव्हल माईल्स ह्या नेमाळ्याचो शुभारंभ केलो.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी जीएमआर इन्फ्रास्ट्रक्चर ली. चे सुनिल टंडन, वेवस्थापकीय संचालक उत्कर्ष दाभाडे, गोवा माइल्सचे संचालक पराशर पै खोत, श्रीमती पुजा पै खोत, ट्रॅव्हल माईल्सचे संपादक सचिन कांबळे आनी हेर प्रतिनिधी हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले, गोवा माईल्स सेवेवरवीं पर्यटकांक सुरक्षीत आनी योग्य दरात प्रवासाची सुविधां मेळपाक लागल्या आनी पर्यटनाक वाव मेळ्ळा. आयज गोवा माईल्स सेवेकडेन 1900 जाणांनी नोंदणी केल्ली आसा आनी पर्यटक आनी लोकांकडल्यान ह्या सेवेक बरो प्रतिसाद मेळटा. गोंयात पर्यटन वाडोवपा खातीर सांस्कृती पर्यटन, ईको पर्यटन आनी स्वास्थ्य पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज आसा. सरकार रोखडेंच नवीन पर्यटन धोरण निश्चित करपाचे आसून त्या खातीर ह्या क्षेत्रातल्या वेवसायिकांच्यो सुचोवण्यों विचारात घेतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोवा माईल्स सेवेच्या उत्कृश्ट कर्मचाऱ्यांचो भोवमान केलो.

सुरवातीक पराशर पै खोत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. जोशनी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी सचिन कांबळे हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/43

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA